# 'खेलो इंडिया' संवादात श्रीपाद नाईक  हांचो सहभाग

ता. 27 ऑगस्ट  2026

केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीन नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्री श्रीपाद नाईक हांणी राज्यसभा खासदार श्री सदानंद शेट तानावडे हांच्या वांगडा म्हापशेच्या सेंट झेवियर्स म्हाविद्यालयात आयोजीत 'खेलो इंडिया' संवाद कार्यक्रमात वाटो घेतलो.

प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांणी सेंट झेवियर्स कॉलेजीच्या विद्यार्थ्यां कडेन व्हर्च्युअल पद्धतीन संवाद साधलो आनी  तांकां आपल्या जीणेत फिटनेस आनी खेळाचो स्वीकार करपा खातीर प्रेरित केले. ह्या संवादात निरोगी जीणेशैली, सकारात्मक इश्टवर्ग आनी खेळाच्या माध्यमातल्यान व्यसनमुक्त समाज निर्माण करपाच्या गरजेचेर मार्गदर्शन केले.

श्री श्रीपाद नाईक हांणी सेंट झेवियर्स कॉलेजीच्या खेळगड्यांचो सन्मान करून तांच्या खेळांतली गुणवत्ता आनी  उत्कृश्ट कामगिरीची तोखणाय केली. विद्यार्थ्यांनी खेळा मळार  आपल्या संस्थेक मानसन्मान मेळोवन दिल्ले खातीर तांची  दिल्याबद्दल तांचे अभिनंदन केले.

संवाद सत्रा उपरांत उलयतना श्री श्रीपाद नाईक हांणी, अशा अर्थपूर्ण संवादाक लागून तरणाट्यांक भरपूर  प्रोत्साहन मेळटा, तांकां व्हड सपनां पळोवपाची,  निरोगी आनी सुदृढ जीणेशैली आत्मसात करपाची आनी आपली ऊर्जा राष्ट्र उभारणीच्या वावराक वापरपाची प्रेरणा मेळटा, अशें सांगलें. एक निरोगी, प्रेरित आनी सक्षम तरणाटी पिळगी अदीक मजबूत आनी निरोगी भारताच्या जडणघडणीत म्हत्त्वाची भूमिका निभावतली, असोय विश्वास तांणे उक्तायलो.

राज्यसभा खासदार श्री सदानंद शेट तानावडे हांणी विद्यार्थ्यांक तंदुरुस्तीक आपल्या दिसपट्टे जीणेचो  अविभाज्य भाग करपाचे आवाहन केले. यश मेळोवपाक परिपूर्ण जीण जगपा खातीर निरोगी शरीर आनी शिस्तबद्ध जीणेशैली आवश्यक आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें.

म्हा /सप/    / विगां/ 2026/602

--
------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.